
# 2 कलेंतली वनस्पत

0337CH02

आमचे भोंवतणी जायतीं वनस्पत दिसतात.
ह्या अध्यायाच्या शेवटाक तुमकां कथांच्या माध्यमांतल्यान वनस्पतींचें म्हत्व कळटलें आनी निसर्ग भोंवडेंतल्यान तांची सोबीतकाय सोदून काडटली.
बागायतींनी, उद्यानांनी, शेतांनी, कुळागरांनी, वा तुमच्या भोंवतणच्या खंयच्याय रानवटी वाठारांत. निसर्गाकडेन संबंदीत कांय कथा याद करून त्यो सगळ्यो तुमच्या कलाकृतींतल्यान सांगपाक मेळटल्यो. तशेंच तरेकवार गजालींचें निरिक्षण करतले **ओळी, आकार**, **रंग** आनी **नमुने**. निसर्गांत आनी तांकां मेळिल्ल्या डिझायनांक कपड्यांर जोडप.





काडयो, बियो, कांकणां, सुकीं पानां आनी फुलां आनी हेर वस्तू जे तुमकां मेळटात ते एकठांय करून प्रयोग करूं येता. तशेंच स्वताचीं काल्पनीक चित्रां तयार करूं येता. ड्रेस, ग्रीटींग कार्ड, पेज बॉर्डर आनी स्टेन्सिल हांचे खातीर तुमी रेखांकन, रंग आनी हस्तकला कामा वरवीं स्वता डिझायन तयार करूंक शकतात.






## कृती 1 निसर्गांत चलप आनी रेखाटन कपर

तुमच्या वर्गा भायर पावल दवरचें आनी शाळेची बाग, उद्यान, शेत, कुळागर वा सुरक्षीत आशिल्ल्या आनी जायतीं वनस्पत आशिल्ल्या खंयच्याय रानवटी जमनीच्या वाठाराक भेट दिवची.

पानां, फुलां, कांडां, साली, किडी, फुलपाखें, फांतीं, फळां, बियो आनी मुळां हांकां हळुवारपणान स्पर्श करून बारीकसाणेन पळयात. कसले तरेचे ओळी, आकार, रंग आनी नमुने तुमकां दिसता? तांकां स्पर्श करपाचें कशें दिसता?



तुमचें रेखाचित्र पुस्तक वा कागद आनी पेन्सिल घेवन वचात.

## कृती 2 निसर्गांत रावून काडप

तीन वा चार पानांची, फुलांची वा सुकण्यांची
रुपरेखा काडून रंग दिवप
वेगवेगळ्या आकारांचे.



चालू दवरप: स्वताचे सैमीक रंग तयार करप.
फळ, भाजी, मुळां, फुलां वा पानांचो
ल्हान ल्हान भाग आपल्या भोंवतणच्या
वाठारांतल्यान घेवचो. तांकां कुसून थोड्या
उदकान घालात आनी तुमकां खंयचे रंग
मेळटात तें पळयात!

© NCERT not to be republished

## कृती 3 रसाळ रंग !


पानां, फळां, फुलां हांचेपसून रंग काडूं येता.

खातना तुजी जीभ खंयच्या रंगाची जाता —


**बीट**



**जांभळा**




**आंबो**



वयल्या आकारांत रंग भरात.



© NCERT not to be republished



सैमीक रंग वापरून वयल्या पेटयेंत चित्र काडून रंगयात.


## कृती 4 इमारतींत जाळी (ग्रिल)

ग्रिलाक अशेंय म्हणटात जाळी.

केन्ना केन्नाय निसर्गांतल्यान घेतिल्ले नमुने वा भुमितीय आकार हातूंत जाळी कोरांतिल्ले आसतात.


भोंवतणच्या इमारतींनी तुमी कसले तरेच्यो विंडो ग्रिल पळयल्यात?

खिडक्यांनी वा दाराच्या ग्रिलांत डिझायन पळयल्यात?



**कोरांतिल्ले जाळी इमारतीक वा स्मारकाक भेट दिवप. तुमी थंय पळयलें जाळी नमुने काडटात.**

पेन्सिल वापरून, रिकाम्यो सुवाती स्वताच्या जाळी नमुन्यांनी भरच्यो.



© NCERT not to be republished

## कृती 5 तुमच्यो स्वताचें जाळी तयार करप

**हे कृतींत कात्री वापरतना खूब जतनाय घेवची. तुमच्या शिक्षकाची वा पालकाची मजत घेता.**

तुमच्या इश्टाक जाळी तयार करतना कापपाक वा फोल्डिंग करपाक अडचणी येतात तांका मदत करात.

**प्रक्रिया 1**

एक पोरणें खबरांपत्र घेवन जायते पर्यायी घडी घालात.

**प्रक्रिया 2**

दोन वा तीन वेगवेगळे पानांचे आकार काडटात.


**प्रक्रिया 3**


सगले पट संरेखित दवरून आकार कापून काडटात.

**प्रक्रिया 4**

घडी केल्ली उगडात आनी तुजें जाळी. रंग करात!












**आतां, स्वताचो उपेग जाळी स्टेन्सिल म्हूण आनी कागदाचेर डिझायन तयार करात. रंग करात! हांगा दिल्लो नमुनो पळयात.**







© NCERT not to be republished



## कृती 6 चित्रांतल्यो काणयो

वनस्पत वा झाडां विशीं तुमकां कांय काणयो खबर आसा?
काणी सांगपी चित्र काडात आनी रंग दियात.



**शिक्षकाक टिपणी**

सगल्या भुरग्यांक वनस्पत, झाडां, जनावरां आदी विशीं एक काणी सांगपाक सांगूं येता.



© NCERT not to be republished

घरांत मेळपी कपडे, कापड, चित्रां आनी हेर वस्तूंनी कांय वनस्पती डिझायन सोदून काडात. तांकां हांगा काडटात.





© NCERT not to be republished

## कृती 7 वनस्पतींच्यो सोबीत आकृती काडप

तुमचें साहित्य वेंचून काडप:
सादो कागद, चार्ट पेपर, कचऱ्याचे रॅग, पोरणीं खबरांपत्रां वा रंगीत कागदां, धागो, सैमीक साहित्य जशें, बियो, फुलां, पानां, जमनीर पडिल्ल्या पाकळ्यो आनी गम.

वनस्पतींची ताजीं फुलां आनी पानां काडप टाळचें!



तुमच्या कल्पना आनी साहित्याची निवड तुमच्या शिक्षक आनी समवयस्क हांचे कडेन चर्चा करात. तुमी ग्रीटींग कार्ड वा पेज बॉर्डर तयार करूंक शकतात. आपले विचार हांगा काडटात.

© NCERT not to be republished